प्रादेशिक खबरो

१८.०७.२०२५ @ ७.२५ am

DIP 30

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सांवत हाच्या हस्तुकी  पशुसंवर्धन व पशु चिकीत्सा सेवा मंत्री निळकंठ हळर्णकर, सावर्डेचे आमदार गणेश गांवकर आणि हेरांच्या  उपस्थितीत मोले धारबांदोडा हांगा  फाल्या  सकाळी ११.०० क  पशुसंवर्धन खात्याच्या दवाखान्याचे उक्तावण जातले

सुभाष 110

राष्ट्रीय शिक्षण धोरण २०२० प्रमाण इकरावी आनी बारावी वर्गांतल्या सगल्या विद्यार्थ्यांक करिअर मार्गदर्शन दिवपाकूच जाय अशें सुचयलां. ह्या मार्गदर्शक तत्वांक पाळो दिवंक तिसवाडी तालुक्यांतल्या शाळां खातीर करिअर मार्गदर्शन कार्यशाळा घडोवन हाडल्या. ही करिअर मार्गदर्शन कार्यावळ 18 आनी 19 जुलयाक कलाकादमीच्या मुखेल सभाघरांत जातली. गोंय राज्य शिक्षण, प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्था आनी प्रो एड्यूटेक एलएलपी हांणी संयुक्तपणान ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या. बारावीच्या  वर्गांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर ही कार्यशाळा सक्तीची आसतली अशी म्हायती SCERTन दिल्या. विज्ञान वेवसायीक आनी कला, फाट्यांच्या विद्यार्थ्यां खातीर शुक्रारा 18 जुलयाक, वाणिज्य फाट्यांच्या विद्यार्थ्यां खातीर शेनवारा 19 जुलयाक करिअर मार्गदर्शन दितले अशें गोंय शिक्षण, प्रशिक्षण आनी संशोधन संस्थेचे संचालक मेघना शेटगांवकार हांणी सांगलें.

महेश 45

राष्ट्रीय नमुना सर्वेक्षणाच्या पंचातराव्या वर्साचे निमित्यान, भारत सरकारच्या सांख्यिकी आणि कार्यक्रम अंमलबजावणी मंत्रालयाच्या अंतर्गत राष्ट्रीय सांख्यिकी

कार्यालयान  अन्वेषा २.० या नावान एक प्रश्नमंजुषा सर्त आयोजित केल्या. ही कार्यवळ १८ जुलैक गोयातल्या महाविद्यालयीन आणि विद्यापीठीय विद्यार्थ्यां खातीर आयोजित केल्या. इच्छुक महाविद्यालयां त्यांच्या प्राचार्यांमार्फत ro.pnj-fod@nic.in या ईमेलवरवी संपर्क साधू शकतात.

गणेश 90

गोंय कर्मचारी भरती आयोगा मार्फत भरती जावपी पुलीस उपनिरिक्षकांच्या 187 पदां खातीर 10 ऑगस्टाक पयली सीबीटी परीक्षा जातली. गोंय कर्मचारी भरती आयोगान परीक्षेची नोटीस जारी केल्या.
 अंदूं म्हणल्यार 2025 वर्सा खातीर सहाय्यक शिक्षक, पीएसआय, तंत्रीक सहाय्यक, ग्रंथपाल मेळून 398 पदां भरपा खातीरची जायरात आयोगान मे म्हयन्यांत जारी केली. सगळ्या पदां खातीर मेळून सुमार 8500 अर्ज आयल्या. सगळ्या पदां खातीर अर्ज करपाची पयली 23 मे ही निमाणी तारीख आशिल्ली. पीएसआय पदां खातीर अर्ज करपाची तारीख 30 मे मेरेन वाडयली. सहाय्यक शिक्षकांच्या 118 पदां खातीर अर्ज करपाची मुजत वाडोवन ती 15 जुलय केली.

UIDAI 110

भारतीय विशिष्ट ओळख प्राधिकरण(UIDAI)न मरण आयिल्या व्यक्तींचे आधार क्रमांक निष्क्रिय करून आधार डेटाबेसाची अचूकता आणि अखंडता राखपाक सक्रिय उपाययोजना केल्यात. या उपाययोजनां अंतर्गत, UIDAI न भारताच्या रजिस्ट्रार जनरलाकडे सहकार्य करून आधार निष्क्रिय करपाक १.५५ कोटी मृत्यू नोंदी मेळयल्यात. इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती तंत्रज्ञान मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणाला की, भारतीय रजिस्ट्रार जनरल (RGI)न  नागरी नोंदणी प्रणाली (CRS) वापरून २४ राज्यां आणि केंद्रशासित प्रदेशांच्या UIDAI क अंदाजे १.५५ कोटी मृत्यू नोंदी प्रदान केल्यात. CRS नाशिल्ली राज्यां आणि केंद्रशासित प्रदेशां वांगडा अशीच प्रक्रिया सुरू आसा अशे तातुंत म्हणला. UIDAI न फाटल्या महिन्यात माझा आधार

पोर्टलचेर 'कुटुंबातल्या सदस्याच्या मृत्यूची कागाळ करप ही नवीन सेवा लेगीन सुरू केल्या जी सध्या नागरी नोंदणी प्रणाली वापरपी २४ राज्यां आणि केंद्रशासित प्रदेशांमदी नोंदणीकृत मरणां खातीर आसा.

वैष्णव 50

इलेक्ट्रॉनिक्स आणि माहिती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी घोषणा केली की देशातल्या धा लाख नागरिकांक कृत्रिम बुद्धिमत्तेचे प्रशिक्षण मोफत दितले आणि ग्रामीण पातळीवेल्या उद्योजकांक प्राधान्य दितले. डिजिटल इंडियाच्या १० वर्षांच्या उत्सवानिमित्त नवी दिल्लीत यशोभूमी कन्व्हेन्शन सेंटरात आयोजित कार्यक्रमात.वैष्णव हाणी ही घोषणा केली. देशभरात परिवर्तनकारी डिजिटल सक्षमीकरणाच्या दशकाचे हे वर्ष आसा

स्पोर्ट्स 45

गोवा टेनिस बोल क्रिकेट असोसियेशनाची विसाव्या अखिल भारतीय अंतर विभागीय दादल्यांच्या टेनिस बोल क्रिकेट सरती निमित्त पगड चाचणी फाल्या माशेलात दवरल्या. गोवा टेबल टेनिस असोसियेशनाण मंगेशी आणि चांदर हांगा ११ १३ आणि 15 वर्सा साकयल्या चले आणि चलयाखातीर अखिल गोवा मुखेल मानाकण टेबल टेनिस सरत आयोजित केल्या

IMD 40

पणजी वेधशाळेन नोंद केले तापमान कमाल २८.5 आणि किमान २४.5 **DC** राज्यात फुडले सात दिस काय वाठरांनी घोग्यांनी पावस पडू येता तशेच वारे वराक 30 ते 40 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 50 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला